**शिक्षणीक प्रवेश संबंदीत बनावट पत्रकां वाटपा बाबतीत लोकांक कळोवणी**

ता. 22 जुलय 2024

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळाची मान्यताय आनी संमती आशिल्ल्याचो फटीचो दावो करपी शिक्षणीक प्रवेश संबंदीत जायराती आनी पत्रकां वाटपात आयिल्ल्याचें मंडळाच्या नदरेक आयला. ग्रामीण मुक्त विद्यालयी शिक्षा संस्था, ह्या बिगर सरकारी संस्थेक मंडळा कडल्यान परिक्षेखातीर कसलीच मान्यताय मेळिल्ली ना.

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान लोकांक कळीत केला की संस्थेन आपल्या जायरातीत दिल्ली म्हायती पुराय फट आसा. मंडळान अशा जायरातीक परवानगी दिल्ली ना. लोकांनी ह्या पत्रकातल्या दाव्याक बळी पडचे न्हय. पत्रकात केल्ल्या दाव्याप्रमाण ह्या संस्थेकडेन वेव्हार करतना खबरदारी घेवची, तशेंच खंयचीय संस्था वा व्यक्तिन आपली स्वताची म्हायती दिवची न्हय. ह्या बनावट संस्थेकडेन संपर्क करप वा आदेश मानप हे पुराय एकामेकाच्या जोखिमेचेर आसतले, अशें मंडळान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/326

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.